एक खेळ काळखाचो

अभयकुमार वेलींगकार



एक खेळ काळखाचो

(कोंकणी नाटक)

अभयकुमार वेलींगकार

शणै प्रकाशन

वेलींग

एक खेळ काळखाचो
(कोंकणी नाटक)

अभयकुमार वेलींगकार

Ek Khel Kalkhacho
(Konkani Drama)

Abhaykumar Velingkar

© सौ. प्रियागा वेलींगकार

प्रकाशक :
शणै प्रकाशन
वेलींग - म्हाड्डोळ, गोंय-403404
मो. : 9423884687

पयली उजवाडावणी : **जानेवारी 2020**

प्रकाशन क्रमांक : **60**

अक्षरजुळणी :
अतुल र. पंडित
मो. : 9623269013

छापपी :
रीया ग्राफिक्स
मो. : 9881409237

मुखचित्र :
सिया अतुल पंडित
मो. : 9764887346

मोल : ₹ **50/-**

ISBN : 81- 86390- 18-9

मनोगत :

नियती

संकल्प आनी सिद्धी हांचे मर्दी नियती आसता अशें म्हणटात. आतां नियती म्हणल्यार कितें तें सांगूक जावचें ना पूण ही नियती जे मेरेन प्रसन्न जायना ते मेरेन कसलेंच काम पूर्ण जायना. कितलेय संकल्प सोड, तांकां सिद्धी प्राप्त जायना. हाचो अणभव आमकां वेळावेळार येता आनी नियती आसा ही गजाल मानचीच पडटा.

'एक खेळ काळखाचो' ह्या नाटका वेळार ताचो म्हाका प्रत्यय आयला. तशें पळोवंक गेल्यार हें म्हजें दुसरें नाटक आसपाचें. पयलीं कांय एकांकी बरयल्यो आनी उपरांत नाटक बरोवंक घेतलें. रवींद्रबाब केळेकार सदांच म्हाका म्हणी : पुरो रे त्यो कविता. आतां नाटक बरोवन पळे. एकांकी बरयताच, आतां नाटका वटेन पावल घाल.

त्याच समयार आमच्या स्कुलांत एक संप जालो. आतां संप म्हणटकूच भलत्यांकूच त्रास जातात. हाचेरूच एक नाटक बरयलें 'आमचोय संप'. सगळो क्लासरूम संपार वता आनी मागीर जें कितें घडटा तें हातूंत मांडिल्लें. हांवें हेडमास्तराक तें नाटक वाचूंक दिलें. तोवूय एक नाटककार म्हणटकूच तो कांय सुचोवण्यो करतलो अशें दिशिल्लें. ताणें नदर मारली. म्हजी तोखणाय केली आनी म्हाका दुसऱ्या दिसा आपयलो.

दुसऱ्या दिसा ताचें कितें जाल्लें खबर ना. म्हाका पळेलो आनी ओगीच तिडकलो. म्हजें हातबरप मोखून मारलें आनी तापिल्ल्या आवाजान म्हणूंक लागलो, 'शिकपाचें ना रे? फकत नाटकांच करपाचीं? शिक मात्सो शिक, नाजाल्यार जिविताचेंच नाटक जातलें.'

म्हाका राग आयलो आनी वायट्टय दिसलें. हांव हातबरप घेवन क्लासींत आयलों आनी तिडकीभरशीं तें नाटक हांवें पिंजून उडयलें. जालें! एक नाटक जल्मुचे आदींच सोंपलें. दोन दिसांनी हेडमास्तरान आपोवन व्हेलो आनी म्हाका नाटका विशीं विचारलें. हांवें म्हणलें, 'नाटक भायर मारलें, आतां फकत शिकपाचें.' तो 'आँ' करून म्हाका पळेत उरलो.

हें दुसरें नाटक बरेंच उसरां बरयलें. हे फावट सुमंतबाब केळेकाराक वाचूंक दिलें. ताणें ताचेर जायते संस्कार केले आनी 'जाग' मासिकाच्या एप्रील 1998 च्या अंकांत तें उजवाडायलें. तेन्ना तांणी म्हणलें, 'हें नाटक हांव पुस्तकरुपांत हाडटलों.' हांवें बरें म्हणलें पूण नियतीच्या मनांत वेगळेंच आसलें. सुमंतबाब आमकां अचकीत सोडून गेलो आनी नाटक पुस्तकरुपान येवपाचें उरलें.

आयज नियती म्हजेर प्रसन्न जाल्या. आयज-फाल्यां करतां करतां आतां हें नाटक पुस्तकरूपान येता. म्हजें काळीज भरून आयलां. हें पुस्तक तुमकां आवडलें जाल्यार हें पुस्तक जल्माक घालचे खातीर जे त्रास हांवें काडल्यात ताचें सार्थक जालें अशें हांव म्हणन.

– अभयकुमार वेलींगकार

पयलो अंक

(एका मध्यमवर्गीय कुटुंबाच्या घराची एक कूड. निला एकटेंच बसलां. तोंड दुखेस्त. हातांत एक नेमाळें. पूण तांतूंत लक्ष ना. पानां बेठींच चाळटा म्हणपाचें कळटा. वण्टींचो रंग उडला. जळींमळीं घयरांव दिसता. इतलेंय आसून एका वेळार हें घर एका गिरेस्ताचें आसलें म्हणपाचें कळटा. पड्डो वयर सरता तेन्ना दारा वयर एक घड्याळ दिश्टी पडटा. ती बंद पडल्या.)

राजीव : (भितर सरता पूण निला लक्ष दिना) गुड मॉर्निंग निला. (तें आयकूंक नाशिल्ले वरीच करता.) खंय आसा लक्ष तुजें?

निला : गुड मॉर्निंग.

राजीव : आयज जालां कितें तुजें?

निला : कितें जावचें उरलां?

राजीव : बरोबर आसा. कितें जावचें उरलां? कुळकायद्यान शेत गेलें. संपाक लागून धंदो बुडलो.

भीक मागची पाळी आयल्या. गेल्लो दीस सुखाचो मानून फायच्या दिसाची चिंता करूंक जाय.

निला : कित्याक करूंक जाय चिंता? कोणें सांगल्या करूंक?

राजीव : म्हळ्यार ...?

निला : सबंद रात खंय आसलो?

राजीव : सदां खंय आसतां?

निला : तें म्हाका कोण सांगता?

राजीव : मागीर आजूच हो प्रस्न कित्याक?

निला : आमच्या लग्नाक आयज धा वर्सां सोंपतात.

राजीव : ओ, सॉरी. यादूच ना म्हाका. साडी तरी हाडटलों आसलों.

निला : बरें जालें हाडलिना ती. पयशे वाटावले... भेट दिवचीच जाल्यार...
(वाक्य अर्देच सोडटा.)

राजीव : निला, आयज अशें कितें उलयता?

निला : सोंसू नजो म्हणून.

राजीव : (विशय बदलीत) चल आमी खेळूंक बसुंया. (इस्पीक काडटा)

निला : नाका. जो खेळ खेळूंक जाय तो केन्ना म्हजे वांगडा खेळ्ळोच ना.

राजीव : (परत विशय बदलीत) घर मदेरार करूंक जाय आसलें.

निला : कित्याक, कोण रावतलो तातूंत?

राजीव : घयरांवूय जाला आनी जळारां आंग फोडटात सामकीं.

निला : घरांत येत सावन तांचोच सांगात मेळ्ळा म्हाका.

राजीव : ती घडयाळ आनी बंद पडल्या. सारकी करची पडली.

निला : घडयाळ बंद पडली तरीय काळ मुखार वताच. तो थांबना.

राजीव : तुजें घडलां कितें आयज?

निला : ह्या घरांत आयलें त्या दिसाच्यान अशेंच आसा हांव.

राजीव : निला... तुका कितें जालां?

निला : फाटलीं धा वर्सां जाता तेंच.

राजीव : निला, म्हाका राग आयल्यार...

निला : दादलेपण दिसून येतलें. केन्ना आयला राग? आनी राग आयल्यार कितें करतलो?
पांयांक जोतें चडोवन भायर सरून वतलो.

राजीव : तुका जालां कितें तेंच कळना.

निला : न्हिदे सवंग घेतल्याक कोण उठयतलो? आयचो पेपर वाचला? (पेपर ताचे मुखार धरता.) वाच ही खबर. एके बायलेक तिळें जालां. तीन भुरग्यांची आवय जाल्या ती. (पिशांवरी हांसता)

राजीव : (ताका थातारीत.) निला, कितें करता हें? (निला ताका पळेत रावता. खीणभर शांतताय.) अशें कितें करता? (निला आंग काडटा आनी परत ताका पळेत रावता.) तूं बरें आसा न्हय? काय दोतोराक हाडुया? निला, कितलें दीस जाले तूं अशें वागता. कितले दोतोर जाले, वखदां जालीं, व्हिटामिनां जालीं.

निला : (रागान) पुरो तीं वखदां आनी व्हिटामिनां. जें जाय तें तुजे लागीं आसा. तुका खबर आसा तें.

राजीव : (गोंदळिल्लेवरी जाता.) निला!

निला : कित्याक असो छळटा म्हाका? सोंसूंक जायना म्हज्यान. (हुडके-हुडकेवन रडूंक लागता.) कितें गुन्यांव केल्लो हांवें तुजो म्हूण हो छळ मांडला!

राजीव : निला...!

निला : म्हाका जाप जाय. (दोगांय एकमेकांक पळेतात. कोणूच उलयना) सांग उलय मरे बेगीन.

राजीव : निला, कितें हीं पिशेपणां?

निला : पिशें लागचेलेंच उरलां आतां. नाजाल्यार दोतारा कडसून सर्टिफिकेट घेवन यो पिशें लागिल्ल्याचें आनी व्हरून उडय मानिकोमांत. एक कटकट वतली. मागीर तूं मेकळो तुज्या त्या ताका हांगा हाडून दवरूंक.

राजीव : (धेंगशेता) निला...!

निला : तापलो म्हणटकूच व्हडलो जालो न्हय? आयज धा वर्सां जालीं आमच्या लग्नाक. पूण विचार कर, ह्या धा वर्सांत तुवें कितें दिलें म्हाका? मोग दिलो? बरें उतर दिलें? ना. भुरगें जावपाक तर सदांच विरोध.

राजीव : आगो, भुरगें कित्याक जावंक दिवंक ना तें नकळो तूं? दोतोरान सांगलां...

निला : हय, जाणा हांव तें. भुरगें जाल्यार हांव मरतलें म्हूण सांगलां न्हय दोतोरान? मरूं दी हांव मेल्यार. पूण म्हाका भुरगें जाय. (कांय वेळ वोग्गी) दोतोर म्हणटा... फटींग. दोतोराचेर घालें की जालें. खरें म्हळ्यार तुजो म्हजेर मोगूच ना. (पिशांतूर जाल्लेवरी व्हडाव्हडान हांसता. राजीव त्या हांसपान बेजार जावन ताचेर थापट फुलयता आनी 'निलाऽऽ' म्हणून तापता.) थापट मारलें? तुवें म्हजेर थापट मारलें. दादलेपण दाखयलें. (हांसतालें तें गंभीर जाता) भुरगें ना पूण थापट मेळ्ळें. धा वर्सांत दादलेपण आसा म्हूण दाखयलें. बाकी तूं दादलेपण दाखोवंक घरादाराक तरी आसता खंय म्हण? हांव संवसार करतां एका जित्या-जिव्या मड्या वांगडा. (आंग शिरशिरायता) कित्याक छळटा रे म्हाका? कित्याक?

राजीव : हांव कोणाक छळना.

निला : मागीर म्हाका भुरगें कित्याक दिना?

राजीव : हांवें सांगलें न्हय!

निला : तेपरस सत कित्याक सांगिना? तुजो म्हजेर मोग ना. तुवें मोग दुसऱ्याच कोणाक तरी दिला म्हूण.

राजीव : जाणा जावन कित्याक विचारता?

निला : मागीर म्हजे कडेन लग्न तरी कित्याक केलें? ताचे कडेन करचेलें. म्हजी कित्याक वाट लायली?

राजीव : आवयचें मन दुखोवचें नासलें म्हाका.

निला : आवयचें मन सांबाळूंक म्हज्या मनाची कित्याक वाट लायली?

राजीव : तुमी चवकशी कित्याक केली ना? गांवचो कोणूय विचारल्यार म्हजे विशीं सागंपाचो. सगळ्यांक खबर आसलें. हांव कोणाचेर मोग करता तें.

निला : आमी पिर्शी थरलीं न्हय! घराब्याचेर गेलीं. घराणें बरें म्हूण चवकशी केली ना.

राजीव : आतां म्हाका दोश कित्याक?

निला : हय तुका दोश कित्याक? अजून आमच्या लग्नाचे पयले रातीचो उगडास जाता... हांव वाट पळेत बशिल्लें. तूं येतलो म्हूण. रात सरली. सकाळ जाली तरी तुजें दर्शन घडलें ना.

राजीव : म्हाका मना आड कांयच करचें नासलें.

निला : मागीर हनिमुनाचें नाटक तरी कित्याक केलें? ती उटीची भोंवडी कित्याक केली?

राजीव : आईच्या दोळ्यांक उदक लावंक.

निला : आईच्या दोळ्यांक उदक लावंक म्हज्या दोळ्यांतल्यान उदक काडलें. उटीचे ते थंड हवेंत हांव चंद्रिमाची वाट पळेत बशिल्लें पूण चंद्रीम आयलोच ना. मळबांत फकत काळीं कुपांच दिशटी पडटालीं. काळीं किट्ट

आनी त्या कुपांनीच एक नखेत्र चंद्रिमाक सोदतालें.

राजीव : निला...

निला : नखेत्र सामकें पिशें जाल्लें पूण चंद्रिमाक ताची मातूय काकूट दिसली ना.

राजीव : निला...

निला : याद कर राज... हांव तुजी वाट पळेत बशिल्लें. तूं आयलो. खूब उसरां. पूण हांव जागेंच आसलें. तूं आयलो तशें हांव खोशी जालें. पूण तूं मात कुडींत एकलोच आशिल्लेवरी वावुरलो. म्हजे कडेन पळेलें लेगीत ना. हांव तुजे वेंगेंत येवंक आतूर जाल्लें. तुवें मात म्हजे कडेन फाट केल्ली. मागीर सदांच तशेंच घडत गेलें...

राजीव : हें पळे, जें जालें तो म्हजो गुन्यांव समज आनी जमलें जाल्यार म्हाका भोगसुचो यत्न कर. पूण तुका जाय तें म्हजे कडेन सोदूं नाका.

निला : तरी तुका भोगसूं? कशें जातलें तें? हो गुन्यांव म्हजेच बाबतींत कित्याक?

राजीव : (तिडटा) तुवें हें कितें चलयलां आयज? हांव घरांत येत पासून पळेतां तूं पिशें लागिल्लेवरी करता. कितें उणें आसा तुका ह्या घरांत?

निला : खांवक-जेवंक मेळ्ळें म्हळ्यार सगळें न्हय.

राजीव : मागीर, वासना भागल्यो म्हणजेच सगळें मेळ्ळें?

निला : तें कळूंक बायलेचो जल्म घेवचो पडटा.

राजीव : जाय तें मेळूंक नाशिल्ल्यो खूब बायलो आसात ह्या संवसारांत.

निला : बाकिच्या बायलांचें उलयना, म्हजे पुरतेंच उलयतां.

राजीव : कितें तें?

निला : म्हाका आवय जावंक जाय.

राजीव : आवय जाली म्हळ्यार सगळें जिखलें?

निला : आवयपणाचें सूख आवयकूच कळटा.

राजीव : पूण आमच्यांनी कोणाचेंय भुरगें पोसकें घेवं येता.

निला : म्हाका आवय जावंक जाय. वावराडी न्हय. लोकांचें भुरगें पोसकें घेवपाक हांव वांजूड न्हय. म्हजो हक्क तूं न्हयकारता. म्हाका दिवपाचें तूं दुसऱ्याक दिता आनी लोक म्हाका थोमणायतात. हांव बायल म्हूण म्हाका दाखोवंक जाय.

राजीव : भुरग्याक जल्म दिवपेकूच हांव बायल म्हणिना...

निला : पूण लोक म्हणटात आनी जो दादलो भुरगें दिवंक शकना ताका हांव दादलो मानूंक तयार ना.

राजीव : (हांसत) दादलेपण हेर जायत्या वाटांनी दाखोवं येता.

निला : घरांतलीं जळारां मारीत बस फायच्यान आनी तीं मारतना फोटो काडून घे. पयलींचे राजा शिकार करतना काडटाले तशे.

राजीव : निला, खूब उलयलें तूं आयज.

निला : हय... आवयचें मन राखूंक जाय आसलें तुका. ते खातीर बळी म्हजो दिलो. तूं सुसेगाद भायर मजा मारता आनी हांव हांगा मन मारून जगतां.

राजीव : निला, तोंड सांबाळून उलय आतां.

निला : कितें करतलो नाजाल्यार?

राजीव : मनांत आयल्यार गळो आंवळून जीव घेतलों.

निला : तितलें सोपें न्हय तें राज. जीव घेवप म्हळ्यार घरांत लग्नाची बायल आसतना राती भायर काडप न्हय.

राजीव : (रागान) निला... (सामको अस्वस्थ. भितर वचून व्हिस्कीची बाटली हाडटा आनी ग्लासांत ओतून

पियेवंक लागता. पियेतां पियेतां आपणाशींच बडबडटा.)काळोख.... हो जिणेचो काळोख राज, तुवेंच केला आनी ह्या काळखांतल्यानूच तुका वाट काडूंक जाय. याद धर त्या खिणाची. आईन तुका झरीना कडेन लग्न करूंक विरोध केल्लो तेन्नाच तुवें सोपूत घेतिल्लो : ह्या घरांत वाडटलो तो भुरगो झरीनाचोच आनी तोच ह्या घराचो वारस जातलो. आवयचो सूड तिचे सुनेचेर घेवंक जाय, तिका अशीच रडत दवरून. म्हणूं दी लोकांनी तिका वांजूड! एक दीस संवसाराक कंटाळून ती जीव दितली आनी झरीना...काळजाची राणी... ह्या घरांत येतली. निला जगतलें तर एकूच वाट... झरीनाच्या पुताक पोसको घेवप. म्हज्याच रगताचो तो. आनी म्हजें आयकलें ना तर मात हाच्याकूय सकयल्या पांवड्याचेर देंवचें पडटलें... (बाटलीच तोंडाक लायता. निला उठून भितर वचूंक वता.) निला, राव. हांव कितें सांगतां तें आयक. केन्ना तरी तुका सांगुंकूच जाय आसलें. इतले दीस तुका भुरगें जावंक जायना अशें दोतोरान सांगलां म्हूण सांगून हांव तुका फटयतालों. तुका कळ्ळांच म्हण तें. पूण आयज आनीक एक सत आयक. (कांय वेळ रावता.) म्हजो पूत झरीनागेर वाडटा. तोच ह्या घराचो वारस जातलो. (कांय खीण शांतताय.) म्हज्या रगताचो जालो तरी ताका पोसको घेवचें नाटक करचें पडटलें. तुका ताची आवय जावची पडटली.

निला : म्हाका जमचें ना तें. म्हाका म्हजो भुरगो जाय. म्हज्या पोटांत वाडिल्लो. असो गांवार जल्मलो भुरगो म्हाका नाका. हांव ताका होंटयेंत घेवचें ना. केन्नाच ना.

(रडटा)

राजीव : तूं रडलें म्हूण हांव फाटीं सरचों ना. तुका मानचेंच पडटलें. हांवें तुजेर उपकार केल्यात ते विसरूं नाका. तुज्या घरची परिस्थिती कशी आसली तूं जाणां. खरें म्हळ्यार, बापायक तूं जड जाल्लें. हांवें तुज्या बापायचे तकलेवेलें वजें देंवयलें. आयज तुका दोन वेळचें वेवस्थीत जेवण मेळटा. म्हजी घरकान्न म्हणून मान मेळटा. खरें तर तुवें तृप्त आसूंक जाय. हांव सांगतां तें आयकूंक जाय.

निला : खरें तुजें. हांव सगळ्यांक जड जाल्लें. घरांत जोड उणी आनी खावपी तोंडां चड आसलीं. हांव मन मारून हांगाच चिकटून रावलां ताचें कारण हेंच. आयज पोट भरतां पूण मन मात रिकामेंच आसा.

राजीव : जाणां हांव. तुका शृंगार जाय. पूण शृंगार म्हळ्यार सगळें न्हय. ती एक गरज. पूण जिवितांत तडजोड करचीच पडटा.

निला : तडजोड हांवेंच कित्याक करपाची?

राजीव : हांवेंय केल्या. आईचें मन राखूंक तुजे कडेन लग्न केलें. झरीनान केली... तें म्हजे खातीर आंकवार रावलें. लोकांनी ताका चेडी म्हळें तरीय ताणें म्हजे खातीर तें सोंसलें आनी म्हज्या भुरग्याची आवय जालें. आतां तूंय तेंच कर. झरीनाच्या पुताक होंटयेंत घे.

निला : (हांसता) व्वा! कितें तर हें उलोवप! आपलें कर्म लिपोवपाक दुसऱ्याचो बळी दिवप. आपली भूक भागोवप आनी दुसऱ्याक उश्ट्या पाना कडेन बोट दाखोवन खोशी जावंक सांगप. आपणें धेंकर दिवप आनी दुसऱ्याचें पोट भरलां समजप. (पिश्यावरी

पासयो मारता) ना. हांव त्या भुरग्याक म्हजो म्हणचें ना. कोण खंयचें झरीना. एक रस्ताद चली. आपल्या सुखा खातीर दुसऱ्याच्या संवसाराक चूड लावपी...

राजीव : (तापून) पुरो जालें तुजें उलोवप. तुका म्हजें आयकुचेंच पडटलें. नाजाल्यार...

निला : ना, ना. हांव आयकुचें ना. हांव कशेंच त्या भुरग्याक म्हजें म्हणचें ना.

राजीव : बरें आसा. तुका जाय तें कर. तुका आवय जावंक जाय न्हय, मागीर बस वचून रस्त्यार. मार कोणाकूय वेंग. म्हजे पासून तुका भुरगें मेळपाचें ना.(पांय आपटीत वता)

निला : रस्त्यार बसूंक, कोणाकूय वेंग मारूंक म्हाका कितें झरीना समजलो? (पुटपुटत कूडभर भोंवता) हय... व्हय, हांव म्हाका जाय तशेंच वागतलें. म्हाका आवय जावंक जाय. मागीर हें सूख दिवपी कोणूय चलता. धा वर्सां मन मारून जगलें हांव. लग्न जावनूय आंकवार उरलें. आतां आनीक रावचें ना.
(इतल्यांत बॅल वाजता. निला भानार येता. भायर वचून दार काडटा. दारांत दोतोर.)

दोतोर : हॅलो निला.

निला : हॅलो डॉक्टर. (दोतोर भितर येता. हातांतलें बॅग मेजार दवरता आनी कदेलार बसता.)

दोतोर : कितें जालां? हांव येतना राज वतालो पूण म्हजे कडेन पळेनाशिल्लेवरीच करून गेलो. कितें घडलें? (निला एकटक दोतोराक पळेत आसा.)

निला : म्हाका आयज खूब खूब बरें दिसता दोतोर. एकाद्र्या सुकण्यावरी उडचेंशें दिसता. पिसोळ्यावरी झाडांचेर

बसून फुलांतलें म्होंव चोखचेंशें दिसता. (हें सांगतासर दोतोर इंजेसांव तयार करून निला लागीं वता.)

दोतोर : वा, वा! म्हळ्यार बरीच सुदारणा जाली तर. आतां हें इंजेसांव घे आनी पळे पिसोळ्याच्या पांखांनी कितली शक्त येता ती. (हाताक स्पिरीट लायता) दुखता म्हणप ना. किळांच मारप ना. (निलाची नदर दोतोराचेरूच आसा. दोतोर इंजेसांव करता. तें आपली तकली दोतोराच्या भुजार दवरता. इंजेसांव काडलें तरी निला तशेंच.) निला...(दोतोराच्या उल्यान भानार येत बेगिबेगीन तकली काडटा. दोतोर अजापला.) इंजेसांवाची संवय जाली तर तुका. नाजाल्यार दर फावटीं बोवाळ करतालें. आयज मात वोग्गी रावन घेतलें.

निला : आयचो दिसूच वेगळो. हांवें राजाक सांगलां, म्हाका भुरगें जाय. भुरग्याक जल्म दितना हांव मेल्यार जाता पूण दुसऱ्याचें भुरगें पोसकें घेवन हांव सांबाळचें ना.

दोतोर : पूण निला...

निला : पूण बी कांयच ना दोतोर. तुमी सगळेच म्हाका फटयतात. ताचो आनी म्हजो केन्ना संबंदूच आयलो ना, म्हाका केन्ना खंयच्याच गायनेकाक दाखयलें ना, आनी तुमकां कशें कळ्ळें हांव आवय जावचें ना म्हूण?

दोतोर : (गोंदळटा) तें खरें पूण....

निला : सांग दोतोर, पूण कितें? म्हाका वखद जाय तें वेगळेंच...तुमच्यान जाता जाल्यार राजाक समजायात दोतोर. हांव भीक मागतां तुमचे कडेन.

दोतोर : पळेतां... पूण ताका कसो समजावप?

निला : कितेंय तरी करात दोतोर.

दोतोर : कितें करूं? तूंच सुचय कितेंय तरी. (निला कांयच उलयना. ताच्या मनांत मोड जालां म्हणपाचें कळटा. निमाणें मन तयार करून...)

निला : दोतोर, दोतोर म्हाका एक सांगात, दादल्यांनी कितेंय केल्यार जाता?

दोतोर : म्हळ्यार?

निला : दादल्यांनी आपल्याक जाय तशें वागचें? घरांत पान वाडिल्लें आसतना तांणी दुसरे कडेन जेवंक वच्चें? आनी बायलांनी मात ते जेविनात म्हूण आपणें उपाशींच रावचें?

दोतोर : म्हाका कळूंक ना तूं कितें म्हणटा तें.

निला : घरांत बायल उपाशीं आसतना दादले भायर शेण खातात जाल्यार बायलांनी तोच मार्ग कित्याक धरचो न्हय?

दोतोर : हें पळें दर एकल्यान आपणाक मानवता तशें वागचें.

निला : दोतोर, म्हजेर एक उपकार करशात? म्हज्या भुरग्याचे बापूय जाशात?

दोतोर : निला, कितें उलयता तूं हें? सारकें आसा न्हय?

निला : हय दोतोर, हांव सारकें आसां...

दोतोर : सॉरी, हें पातक हांव केन्नाच करचों ना.

निला : हें पातक तुमी करचे नात. पूण म्हाका नाका आसतना, गरज नासतना फकत ताका जाय म्हूण फट उलोवन वखदां दिवन म्हाका दुयेंत करून म्हजें सूख ना करपाचें पातक काय पुण्य तुमी केल्यार जाता?

दोतोर : हें सूख तुवें राजा कडसून घेवपाचें.

निला : दोतोर, हांव भीक मागतां तुमचे लागीं...

दोतोर : शी...! आमीच अशे वागल्यार लोकांनी आमचेर विस्वास तरी कसो दवरचो?

निला : (काकुळटेन) दोतोर, खीणभर तुमी दोतोर म्हणपाचें विसरात आनी एक दादलो ह्या नात्यान म्हाका पळेयात. कितें उणें आसा म्हज्यांत? खिणभरा खातीर म्हाका वेंगेंत घेयात. भीक मागतां तुमचे कडेन.

दोतोर : पूण हें कशें शक्य आसा?

निला : कित्याक शक्य ना?

दोतोर : हांव एके बायलेचो घोव हें कशें विसरूं हांव? तिचो हक्क हांव तुका कसो दिवं? तुज्या घोवान तुका फटयलें म्हूण हांव म्हजे बायलेक फटोवं? तातूंत हांव तुका जाय तो गरजे पुरतो. हीच गजाल एकामेकां विशीं आशिल्ल्या मोगान घडिल्ली जाल्यार ती गजाल वेगळी आसली... बरें, येतां हांव. (निलाक हो आपलो अपमानसो दिसता. तें रागान तांबडें जाता. दोतोर वता.)

(तिनसांज जायत आयल्या. निला लायट पेटयता.)

निला : म्हाका आवय जावंक जाय. पूण कशें? कशें जातलें हांव आवय?

कोण दितलो म्हाका भुरगें? (रडूंक लागता. इतल्यात दारांत राजीव येता. व्हडाव्हडान हांसता. निला ताका त्या अवतारांत पळोवन भियेता.)

राजीव : तुका आवय जावंक जाय न्हय?(हांसता) पोसको नाका. तुज्या पोटांत वाडिल्लो भुरगो जाय. (चड नेटान हांसता) आवय जावंक जाय, शृंगार जाय, सूख जाय. (निला भियेलां. राजीव हांसत रावता आनी दारा भायर आशिल्ल्या एका दादल्याक भितर हाडटा.

ताका पळेतनाच तो एक गुंड म्हणपाचें कळटा.) झरीना चेडी, रस्ताद.... देखून तुका ताचो भुरगो नाका न्हय? हो दितलो तुका भुरगो. हो तुजे सारक्या सुंदर बायलांच्या सोदांत भोंवपी... चारदां बलात्काराच्या गुन्यांवाक लागून बंदखणींत गेल्लो. तुका जाय तें हो दितलो. हो दादलो आनी हें सुकणें.

निला : सु...सु....सुकणें?

राजीव : हय, सुकणें (हांसता). दादल्याच्या मोगा खातीर पिशें जाल्लें. आपणाक जाय तें घेवपाच्या हावेसांत आशिल्लें. तुजे सारक्या सुकण्यांच्या सोदांत भोंवपीं हो शिकारी आनी तूं सुकणें, भोगाक हपापलेलें. (हांसता) शृंगार जाय न्हय तुका? कर काळोख. देंवय कपडे. हांवूच करतां काळोख. (तो गुंड मुखार सरता. इतल्यांत राजीव लायट पालयता. सगळे कडेन काळोख. गुंडाचें व्हडाव्हडान हांसप आनी निलाची किळांच कूडभर जाता. आंगार कांटो काडपी पार्श्वसंगीत)

–काळोख–

(उजवाड जाता तेन्ना जागो तोच, देखावूय तोच. फकत वण्टी वयली घडयाळ चलता म्हणपाचें दिसता. राजीव पासयो मारता. तोंडार राग. पयल्या अंकांतले घडणुके उपरांत जायते दीस गेल्यात म्हणपाचें जाणवता. निला भायल्यांतल्यान येता.)

राजीव : उशीर कित्याक?

निला : (उपहासान) हुस्को जालो? आयजूच सो हो प्रस्न?

राजीव : सदच्याकूय चड उशीर केलो आयज.

निला : येवंक जाय तेन्नाच आयलां.

राजीव : भायर वचूंक दितां हाचो चड लाव घेवं नाका. लजेन मान बागोवंक लायली तुवें म्हाका.

निला : काकूट दिसता तुजी म्हाका.

राजीव : कोणा वांगडा गेल्लें?

निला : त्या गुंडा वांगडा निखालूस न्हय.

राजीव : वता जाल्यार सामकेंच तोंड घेवन वच. परत आनी येवं नाका हांगा.

निला : म्हणटकूच तूं झरीनाक हांगा हाडूंक मेकळो.

राजीव : म्हाका तुजें हें मेळत तशें उलोवप, वागप पसंत ना.

निला : तुका पसंत कर अशें हांवें खंय म्हळां?

राजीव : पूण खंयूय वतना सांगून वचूंक कितें जाता?

निला : खंय सांगपाचें, झरीनागेर येवन?

राजीव : घरा आसतना सांगूक जायना?

निला : तूं केन्ना सांगून गेल्ल्याची याद जाता तुका?

राजीव : हांव दादलो हें विसरता तूं!

निला : तें कशें विसरन? दादलेपण दाखयलें न्हय तुवें तुजें!

राजीव : कोणाचेर मोग बी करता जाल्यार तशें सांग. डिव्होर्स दितां.

निला : तूं तेंच सोदता हें जाणां हांव. पूण हांव सोपेपणीं डिव्होर्स दिवचें ना हें मर्तीत धर. आनीक एक... म्हाका मोग करूंक कळना. हांवें केन्ना कोणाचेर मोग केलो ना.

राजीव : मागीर म्हज्या प्रस्नाची जाप कित्याक दिना? उशीर कित्याक जालो तें कित्याक सांगिना?

निला : म्हाका प्रस्न विचारपाचो अधिकार तूं वगडावन बसला.

राजीव : चड शाणेपणां उलोवंक लागलां. सांग, खंय गेल्लें?

निला : दोतोरागेर गेल्लें.

राजीव : इतलो वेळ मेरेन...

निला : दवरून घेतलें ताणें.

राजीव : फट... सामकें फट.

निला : कितें फट?

राजीव : हांव येतना दोतोरागेर गेल्लों. पूण तूं काय नासलें थंय.

निला : (कांय वेळ ओग्गी) खरें तुजें. हांव वचूंक नासलें थंय.

राजीव : मागीर फट कित्याक उलयलें?

निला : पचूंक सोपें म्हणून.

राजीव : पूण तूं आसलें तरी खंय? शी... घराण्याची तरी पर्वा करची आसली...

निला : घराण्यान म्हजी पर्वा केली?

राजीव : तूं कितें करता ताची तुका जाण ना.

निला : तुका जाण केन्ना आयली? दादल्याच्यान बायलेक फटोवं येता आनी बायलेच्यान तशें करूं नजो?

राजीव : तुका म्हणपाचें तरी कितें आसा?

निला : उतरांनीच सांगूंक जाय? तर आयक, जिणेंत काळोख तुवें केलो. तुज्याच हातान दिवो पालोवन. आतां हांवेंय थारायलां, ह्या काळखांतसून पावलां उडोवन मुखार वचप. मुखार वतना कांटे-फातर लागतले हें हांवूंय जाणां. पूण तांचीय संवय जाली की पावलां उडोवंक त्रास पडचे नात.

राजीव : पूण हें करचे पयलीं तुका म्हजें घर सोडचें पडटलें.

निला : तें सोडून वचचेली म्हजी तयारी आसा.

राजीव : खंय वतलें?

निला : ती चिंता तुका कित्याक? खंयूय वचन, कशेंय जगन, पूण समेस्त दादल्यांचेर सूड घेतले बगर रावचें ना. ज्या दादल्यांनी जिवीतभर म्हाका तडफडत दवरलें त्या दादल्यांक तडफडायले बगर रावचें ना.

राजीव : पूण गुन्यांव केलाच जाल्यार तो हांवें केला. मागीर हेर दादल्यांचेर सूड कित्याक?

निला : सगळे दादले सारकेच म्हणपाचें हांवें अणभवलां. दादल्याक दिसता ती बायल... फकत बायल. ताका ती भोगूंक मेळ्ळी की जालें.

राजीव : खुब्ब आयकलें तुजें. पुरो जालें. चल तूं आतां.

निला : वतां, पूण याद धर ... वेळ आयलो की हांव तुजेरूय सूड घेतले बगर रावचें ना.

(पयलो अंक सोंपता)

-काळोख-

दुसरो अंक

(उजवाड जाता तेन्ना वेगळें घर दिसता. राजीव एका मनशा कडेन उलयत उबो आसा.)

मनीस : हें पळे, तुजो कितें तरी गैरसमज जाला. हांगा तसले कांयच चलना.

राजीव : पूण म्हाका दिल्लो पत्तो हांगाचोच.

मनीस : कोणें दिलो हो पत्तो?

राजीव : म्हज्या एका इश्टान .... तूं म्हाका पुलिसेचो बी मनीस समजूंक ना मूं...?

मनीस : (ताका कांय वेळ पळेता) तुज्या इश्टाचें नांव?

राजीव : जॉन.

मनीस : यो. पूण एक मतींत दवर, हांगाची गजाल भायर फुटची ना.

राजीव : ते खातीर मात लेगीत भियेवं नाका.

मनीस : हांगा येवपी चलयां-बायलांक रेश्पेत आसा.

राजीव : रेश्पेत आनी हांगा येवपी चलयां-बायलांक?

मनीस : हय! भितर सरतकूच नासत.... तसो तो तुका म्हाकाय ना पूण हुमरो हुपून भायर वतकूच आसता.

(तो भितर वता. राजीव बांकार बसता. तो येता.)

मनीस : बस मात्सो. आसा एकटी.

राजीव : एनी एडव्हान्स?

मनीस : यॅस्, ऑन्ली थावजंड रुपीज.

राजीव : बाकिचे?

मनीस : तिचे कडेन दिवपाचे. हांव घेतां तें फकत रूमाचें भाडें.
(ते उलयत आसात. इतल्यांत भितरल्यान निला येता.)

राजीव : (उठ्ठा. ताका वेंगेंत घेवंक वता. इतल्यांत दोगांय एकामेकांक पळेतात. मात्सो अजापून ... मात्सो नर्व्हस) तूं.. हांगा...!

निला : (मात्शें नर्व्हस) तूं... तूं हांगा? (कांय वेळ दोगांय एकामेकांक पळेत उरतात.)

राजीव : तूं.. तूं हांगा कशें? म्हाका दिसलें, कोणाय वांगडा गेलें आसतलें म्हूण.

निला : हांव कोण झरीना दिसलें तुका?

राजीव : झरीना एकट्याकूच घेवन बशिल्लें.

निला : म्हजीय तयारी आसली एकट्याकूच घेवन बसचेली.

राजीव : मागीर कोणूच मेळ्ळो ना?

निला : म्हाका जाय तो मेळ्ळो ना. तशे खूब जाण आसात. बायलो घरांत आसतनाय भायर सांबाळपी. पूण म्हाका तसलो नाका आसलो.

राजीव : अशें तर...

निला : हय. आतां उलयत बसचे परस तूं तुजें काम कर. हांगा तें नातें विसर आनी एक गिरायक म्हणून दिल्या दुडवांचें मोल वसूल कर.

राजीव : सॉरी निला, म्हाका ताची गरज ना आतां.

निला : हांव पसंत ना जाल्यार दुसरी मेळटली तुका. मात्सो

बस.

राजीव : ना म्हजो मूड गेलो सामको.

निला : ओ ऽऽ आय एम सॉरी. म्हाका पयलीं तूं म्हणून कळटा तर हांव भायरूच येवचें नासलें.

राजीव : बरें केलें तुवें भायर येवन.

निला : कशें? तुजो मूड पेड्ड्यार जालो ना?

राजीव : तेंय बरेंच जालें.

निला : एक प्रस्न विचारूं?

राजीव : विचार.

निला : झरीनाचोय कंटाळो आयलो?

राजीव : जाणाच आसलों तूं हें विचारतलें म्हूण. तूका कितें दिसता?

निला : म्हाका दिसता त्या घराचोच गुण आसुये तो.

राजीव : म्हळ्यार?

निला : त्या घरांत येवपी बायल, दादल्याक आवडना जावये.

राजीव : चुकता तूं, म्हाका झरीना अजुनूय आवडटा.

निला : मागीर तूं हांगा सो?

राजीव : आयकतलें?

निला : सांग...

–काळोख–

(उजवाड जाता. झरीना आनी राजीव उलयतात.)

झरीना : तुवें तिका कित्याक फटयली?

राजीव : हांवें फोटोवंक ना तिका.

झरीना : तुवें म्हाका सांगिल्लें. तिका सगळें खबर आसा म्हूण आनी हांव हांगा आयल्यार तिका चलतलें म्हूण.

राजीव : हांवें फट सांगिल्लें तें.

झरीना : कित्याक?

राजीव : तुवें येवचें म्हूण.

झरीना : म्हाका हांगा येतकूच कळचें ना अशें दिशिल्लें तुका?

राजीव : हांव तुका समजायतलों आसलों.

झरीना : बायलेक समजावंक जालिना तुज्यान!

राजीव : ती म्हाका आवडनासली.

झरीना : कित्याक आवडनासली?

राजीव : कित्याक...

झरीना : सांग, कित्याक? कितें उणें आसलें तिच्यांत? दिसूंक बरी नासली?

राजीव : सोबीत दिसताली.

झरीना : दुयेंत आसली?

राजीव : ना.

झरीना : तिच्यांत बायलपण नासलें?

राजीव : हें आनी कितें विचारता?

झरीना : मागीर कित्याक सोडली तिका?

राजीव : हाची जाप दिवंक जावची ना म्हज्यान.

झरीना : सध्या खंय आसा ती?

राजीव : म्हाका खबर ना.

झरीना : तिका सोदून हाडूंक जाय. ह्याच घरांत स्थान दिवंक जाय तिका. तिचो हक्क तो.

राजीव : ह्या घरांत? ना. शील वगडायल्ले बायलेक ह्या घरांत स्थान मेळटलें कशें?

झरीना : तिणें शील वगडायलें. आनी तुवें? ... तूं कितलो बरो तें जाणा न्हय तूं? तुका बायल भोगूंक जाय. मागीर तिका दादलो कित्याक नाका? आपल्यो वासना भागोवंक दादल्यांनी कितेंय केल्यार जाता... बायलो मात शीलभ्रश्ट जातात न्हय?

राजीव : हें सगळें तूं कित्याक सांगता?

झरीना : म्हाका हांगा रावप जमपाचें ना...

राजीव : कित्याक?

झरीना : आयज तिणें भोगलां तेंच फाल्यां म्हज्या नशिबांत कित्याक येवचें ना?

राजीव : ना झरीना, तशें घडचें ना.

झरीना : म्हाका एकाद्रो दादलो पसंत पडल्यार ताचे वांगडा वच्चेलें स्वातंत्र्य मेळटलें?

राजीव : म्हळ्यार हांव मानवना तुका?

झरीना : हांव फायचें विचारतां.

राजीव : असले पापी विचार येताच कित्याक तुज्या मनांत?

झरीना : पाप तुवें केलें आनी परिणाम तुजी बायल भोगता. देखून येतात हे विचार.

राजीव : झरीना, तुका हांगा रावचें आसा काय ना?

झरीना : म्हाका पयलीं म्हज्या प्रस्नाची जाप जाय.

राजीव : तुका म्हजे बगर दुसऱ्या वांगडा वचूंक मेळचें ना.

झरीना : म्हाका तुजे वांगडा रावपाचें ना.

राजीव : मागीर दुख्ख करून उपेग जावचो ना. तुका आनीक एक संद दितां विचार करपाची.

झरीना : हांवें पुराय विचार केला. हांव वतां. तूंय परतो म्हजे कडेन येवं नाका.

(सीन सोंपता. परत पयलींचो जागो. राजीव आनी निला उबीं.)

राजीव : आनी त्या खिणा सावन हांव असों.....निला, हांवें तुका परतें घरा व्हेल्यार?

निला : चार वर्ण्टीं मर्दी बसपी पयलींचें उरूंक ना हांव आतां.

राजीव : तुका सगळे तरेचें स्वातंत्र्य मेळटलें.

निला : ताचोय उपेग जावचो ना.

राजीव : अशें कित्याक म्हणटा तूं?

निला : त्या हांतरूणाक आतां मवाल्याचो वास मारता.

राजीव : चूक जाली म्हळें न्हय.

निला : अशें म्हळें म्हूण चूक सुदारची ना.

राजीव : तें हांतरूणूय बदलूया.

निला : मनां बदलूंक जातलीं?

राजीव : फाटलें विसरूंक जाता न्हय!

निला : कितें कितें म्हण विसरप?

राजीव : फाटलें विसरप आनी नव्या जिविताक सुरवात करप.

निला : त्या मवाल्यान दिल्ल्या रोगाक विसरूंक जायत?

राजीव : (अजापून) कितें ऽऽ!

निला : हय. वाडत आसा तो रोग हे कुडीर.

राजीव : ना. निला ना. हें फट म्हण निला.

निला : फट कशें म्हणूं? हें सत.

राजीव : मागीर तूं हांगा....

निला : दादले जातीचेर सूड घेतां; हांगा येवपी दर एकल्याक तो रोग दिवन. घरा भांगरावरी बायल आसतना जे हांगा शेण खावंक येतात तांकां ही ख्यास्त दिवंक बसलां हांव हांगा. तुका याद आसा, हांवें सांगिल्लें... सगळ्या बायलांक छळपी दादले जातीक तडफडायतलें म्हूण हांव.

राजीव : हय. आनी वेळ आयल्यार म्हजेरूय सूड घेतलें म्हूण सांगिल्लें. यो घे सूड. आयज तो वेळ आयला. हांवें केल्ल्या गुन्यांवाची ख्यास्त म्हाका दिवपाचो.

निला : ना. तुका दिवचें ना तो रोग हांव. तुका मेळ्ळां तितलेंच पुरो उरिल्लें जिवीत तडफडावंक. म्हाका लग्ना उपरांत जें कितें भोगयलें तेंच तूं आतां भोग. दुख्ख म्हळ्यार कितें तें कळूंक बरें तुका. चल तूं आतां. जमल्यार इतलेंच कर... झरीनाक देव बरें करूं म्हूण सांग. ताका कांयच न्हय म्हळ्यार एके बायलेचेर जाल्लो अन्याय कळ्ळो. एका दादल्याक जाप विचारचेलें धाडस केलें ताणें. पुरो म्हाका इतलेंच. गुडबाय राजीव...

– काळोख –

(उजवाड जाता. पयर्लींचेंच घर. तोच देखाव. झरीना भियेत भियेत येता.)

घरकार : कितें जाय आसलें ?

झरीना : अं... हांव....

घरकार : कोणाक सोदता?

झरीना : हांव नोकरी सोदूंक आयल्यां.

घरकार : नोकरी आनी हांगा? कसली ती?

झरीना : म्हाका जॉनान धाडल्या हांगा. ताणेंच दिल्लो हो पत्तो.

घरकार : तुका अणभव आसा कामाचो?

झरीना : ना!

घरकार : तुजें लग्न बी जालां?

झरीना : लग्न.... लग्न...

घरकार : हें पळे, मनांत कांयच दवरिनासतना सांग. आमकां सगळें कळ्ळें बगर आमी हांगा कोणाक भितर घेनात.

झरीना : म्हजें जिवीत म्हळ्यार एक काणीच.

घरकार : सांग तूं ती.

झरीना : म्हाका...म्हाका एकल्यान फटयली.

घरकार : आँ, अशें तर.

झरीना : म्हाका एक भुरगोय आसा. ताच्याच पोटाची चिंता आसा म्हाका.

घरकार : आरेरे, अशे घडूंक फावनासलें. पूण चिंता करूं नाका. आमी दवरून घेतात तुका.

झरीना : (खोशयेन) खऱ्यांनीच? आयजवेर म्हजी काणी आयकून कोणेंच दारांत उबें करूंक नासलें.

घरकार : तुवें खरें सांगलें. आमी ताका मान दिलो. तुका काम मेळ्ळें...

झरीना : पूण कसलें काम करचें पडटलें म्हाका?

घरकार : सगळें सांगतां तुका. निकतेंच आयलां. मात्सो विसव घे.

झरीना : पूण म्हाका जमत न्हय काम?

घरकार : संवयेन सगळें जमता.

झरीना : देव बरें करूं तुमकां.

घरकार : बस तूं, येतां हांव.

(तो भितर वता. झरीना बसलां. निला भायर येता.)

झरीना : (निलाक पळोवन) तूं हांगा?

निला : तूं हांगा कशें?

झरीना : काम मागूंक आयिल्लें.

निला : तूं हांगा काम करतलें?

झरीना : हय, म्हाका सिलेक्टूय केलां तांणी.

निला : नाका झरीना. तूं हांगा रावं नाका. नाजाल्यार तुजें निला जायत. चल...चल. तो भायर येवचे पयलींच वच.

झरीना : तूं कितें म्हणटा तेंच कळना म्हाका.

निला : न कळिल्लेंच बरें. पूण हांगाच्यान वच एकदांचें.

झरीना : वोगीच वच म्हळें म्हळें म्हूण वचूं? कित्याक वच तें पयलीं सांग.

निला : कशें सांगू तुका झरीना. आयज तूं आयलां तशेंच हांवूंय आयिल्लें काम सोदीत हांगा आनी...
(उतर तोंडांतूच उरता. उतरां थरथरूंक लागतात. इतल्यांत तो भितरल्यान येता.)

घरकार : वा! निला, येवचे पयलींच ताचे कडेन इश्टागत जोडली. बरें केलें. नाजाल्यार तुजी गत कितें जाल्ली याद आसा मगो पयल्याच दिसा?

झरीना : (अर्थ कळूंक नाशिल्ल्यान) पूण म्हजी कसलेंय काम करपाची तयारी आसा.

घरकार : व्हेरी गुड, व्हेरी गुड. आमकां हांगा असलींच मनशां जाय. पगार आमी भरपूर दिवं, पूण कामूय तशेंच करूंक जाय.

झरीना : हांव करीन तें.

घरकार : गुड. जॉन मात मनशां पारखुपी. जाय तसलींच मनशां धाडटा तो हांगा.

निला : लांडग्या जातीचो तो. कोण नडला आनी कोण फटवला तें बेस बरें कळटा ताका.

घरकार : कितें वायट करता तो? कोणाकूय पोटाकूच लायता न्हय?

निला : आनी ताचेरूच आपणालें पोट भरता.

झरीना : भरतलो न्हय... आमचे सारक्या अडिल्ल्यांक पावता तें व्हडलें म्हणपाचें. नाजाल्यार आज कोणाचें कोणाक पडलां?

घरकार : सारकें उलयलें... तुवेंच सांगून बरें केलें.

(तो उलयतनाच एक मनीस येता. ताच्या कानांत फुतफुतता.)

घरकार : (झरीनाक बोट दाखोवन.) नवी आसा. सारकी सांबाळची पडटली. अजून कामाची वळख ना. हें पळे, तूं हाचे वांगडा वच. तो तुका काम समजायतलो.

(झरीना उठून ताचे वांगडा भितर वता. निला कपलार हात मारता.)

घरकार : कपलार सो हात मारलो? तुजें गिरायक गेलें म्हूण?

निला : न्हय, आनीक एक पडली हे घाणींत, म्हूण.

घरकार : आपूण लोळटा ताकाच घाण म्हणची न्हय निला.

निला : घाण आसल्यारूय?

घरकार : नरकाक सर्ग मानून रावपी मनशां आसात ह्या संवसारांत.

निला : तीं तुजे सारकीं हैवानां....हांव नरकाक नरकूच म्हणन.

घरकार : तातूंत तुजो लाव जाता आसत जाल्यार म्हण बावडें.

निला : पूण तुवें तिका फटयली कित्याक?

घरकार : हांवें कशी फटयलीं तिका? हांव थोडोच आफोवंक गेल्लों तिका...ती आपूण जावन आयल्या तो म्हजो दोश?

(इतल्यांत भितरल्यान झरीनाच्यो किळच्यो आयकूंक येतात. सोड, सोड म्हाका...म्हाका वचूं दी... हांव हे खातीर येवंक ना हांगा... म्हाका असलें काम नाका... हांव तसलें न्हय... सोड म्हाका. पांयां पडटा हांव तुका...)

निला : अजूनय सांगशीत तिका फटोवंक ना म्हूण?

घरकार : कांय जाणां नशिबान फटवतात ताका आमी कितें करतलीं?

निला : निमाणें हेंच सांगतलो तूं.

घरकार : फट सांगलें तर हांवें?

निला : हांव खंय जाणां?

घरकार : तुजेंच उधारण घे. काय बरो संवसार करचो सोडून तूं हांगा आयलें. कोणें आफयल्लें?

निला : पुरो... समजलें.

(भितरल्यान तो मनीस मुमुरख्यांनी हांसत येता. तोंडार जैताचे भाव. ताका दोळो मारून चलूंक लागता. फाटल्यान झरीना येता. ताचे कपडे चुरगळल्यात. केस पिसुडल्यात.)

घरकार : यो. रावतलें काय वतलें? रावचेली सोय आसा.... गेल्यारूय जाता. फाल्यां मात वेळार यो.

झरीना : हांव वतां...फाल्यांच न्हय, परत केन्नाच येवचें ना.

घरकार : (हांसता) एकदां हांगा आयिल्ल्याक परतें येवचेंच पडटा. निलाक विचार जाय जाल्यार. हें घे तुजें भाडें. दर गिरायका फाटल्यान भाडें मेळटलें. कितलीं गिरायकां घेवप तें तुवें थारावपाचें.

झरीना : हांवें तुजें आयकुपाचें.

निला : खूब कळाव जालो आतां.

(झरीना ताच्या तोंडाक पळेत उरता.)

– काळोख –

(उजवाड जाता. गार्डनांतलो एक बांक. राजीव बसला. जॉन हातांत सोऱ्या बाटली घेवन येता.)

जॉन : घे इश्टा, मार फॉल्ग.

राजीव : देव बरें करूं.

जॉन : सोंपतकूच सांग. दुसरी हाडून दवरल्या.

राजीव : देव खूब्ब बरें करूं तुजें. खाशेलो भाव लेगीत करचोना इतली वासपूस करता तूं म्हजी. आमचें पयल्या जल्माचें नातें आसतलें.

जॉन : नातें आसतलें काय रीण आसतलें?

राजीव : कितें तरी आसुंकूच जाय. नाजाल्यार इतल्या मोगान तूं म्हजी वासपूस कित्याक करतलो आसलो?

जॉन : इश्टा, सोरो तो. कोणूय कोणाक दिता. एक मतींत धर. तूं उपाशी आसल्यार तुका कोण वाडचो ना. पूण सोरो मागल्यार मात रोखडोच दितलो.

राजीव : म्हळ्यार?

जॉन : हाकाच संवसार म्हणटात इश्टा...

राजीव : संवसार म्हळ्यार सोरो?

जॉन : न्हय. संवसाराक सोरो म्हणप म्हणचें सोऱ्याचो अपमान करप. सोरो खूब बरो... संवसार न्हय.

राजीव : खरें तुजें इश्टा. सोरो खूब बरो. बावडो सगळें विसरायेर घालूंक उपकारता.

जॉन : पूण अशें कितें विसरूंक सोदता तूं?

राजीव : कितें सांगतलों इश्टा? बायल आसतना दुसरेचेरूच मोग केलो... झरीनाचेर, आनी ती वतकूच सोऱ्याचेर मोग करतां.

जॉन : आरे, पूण झरीना गेल्यार कितें जालें? तुवें असो...

राजीव : बेबदो जावपाचो न्हय. अशेंच मरें? जमल्यार बायलेक घेवन बसपाचें. अशेंच म्हणटलो मरे तूं? हांवूंय तेंच चिंततालों. पूण म्हजी बायल? ती... ती...

जॉन : कितें जालें तिचें?

राजीव : तिचें कितें जातलें? जें जालें तें हांवेंच घडोवन हाडिल्लें.

जॉन : तुजें मोगी कोण म्हळें तुवें? झरीना?

राजीव : हय! कित्याक?

जॉन : झरीना...

– काळोख –

(उजवाड जाता. झरीना हुडक्या हुडक्यांनी रडटा. जॉन येता.)

जॉन : (हेवटेन तेवटेन पळेत) कित्याक रडटा तूं? कितें घडलां? म्हाका सांगल्यार हांव मजत करूंक पळेतलों आसलों.

झरीना : कांयच गरज ना. तुमी सगळे दादले एकेच जातीचे.

जॉन : कोणें फटयली काय कितें?

झरीना : तूं उद्धार करता म्हजो?

जॉन : हांव राम न्हय. हांव जॉन!

झरीना : मागीर चवकशी कित्याक करता?

जॉन : तुजेर बरोच अन्याय घडला आसूंक जाय.

झरीना : म्हजेर न्हय.... म्हाका लागून एके बायलेचेर अन्याय घडला.

जॉन : दुसऱ्याचो विचार आपणें कित्याक करचो?

झरीना : तेंय चुकलें म्हजें.

जॉन : अजून सुदारूं येता.

झरीना : सुदारूंक जमतशें दिसना म्हाका.

जॉन : कित्याक?

झरीना : पोटाची वेवस्था पयलीं पळोवंक जाय.

जॉन : इतलेंच मूं? हांव करता ती.

झरीना : म्हाका कोणाची भीक नाका.

जॉन : भीक घालता तरी कोण?

झरीना : मागीर पोट भरप तरी कशें?

जॉन : खंयूय काम करूं येता.

झरीना : पूण म्हजें शिकप चड जावंक ना.

जॉन : शिकपाक आनी कामाक संबंद ना. काम करचेली खोस आशिल्ल्याक काम खंयूय मेळटा. तूं कसलेंय काम करशी?

झरीना : कसलेंय.

जॉन : जालें तर!

झरीना : केन्नाच्यान मेळटलें?

जॉन : आतांच्यान.

झरीना : (अजापान) आतांच्यान?

जॉन : हय. हांव दितां त्या नाम्यार वच आनी थंयच्या घरकाराक मेळून म्हजें नांव सांग. काम मेळटलेंच.

झरीना : देव बरें करूं.

जॉन : पूण तुजें नांव?

झरीना : झरीना.

जॉन : झरीना...

– काळोख –

(उजवाड जाता. पयलींचो देखाव)

राजीव : कितें जालें इश्टा? पळेत सो उरलो? तूं वळखता ताका?

जॉन : ना रे. पूण म्हज्याय जिवितांत एक झरीना आयिल्लें.

राजीव : आज खंय आसा तें?

जॉन : बऱ्याक पावलां.

राजीव : पावपाचेंच. बऱ्या मनशान वाट दाखयतकूच ते वाटेन वचपी बऱ्याकूच पावपाचे. नाजाल्यार म्हजे सारके...

जॉन : तूं वायट मनीस?

राजीव : हय. म्हजे इतलो वायट मनीस संवसारांत मेळचो ना.

जॉन : अशें कित्याक म्हणटा तूं?

राजीव : हांवें जायतें वायट कर्म केलां. बायलेक सोडून दुसऱ्याचेरूच मोग केला आनी घर विकून सोऱ्याक लार्गी धरला.

जॉन : पिये तूं... जाय तितलो पिये. मातूय चिंतूं नाका.

राजीव : आता तेच करपाचें.

जॉन : पूण तुजी बायल आतां खंय आसता?

राजीव : ती.. ती.. धंद्याक लागल्या.. पेड्ड्यार जाल्या.

जॉन : नांव कितें तिचें?

राजीव : नांव... नांव.. निला.

जॉन : निला... म्हळ्यार...

राजीव : कितें जालें इश्टा?

जॉन : कांय ना. तूं मेळ्ळो तें एक बरें जालें. तुज्या रिणांतल्यान मेकळों जातां. पिये, तूं पोटभर पिये.

राजीव : पूण इश्टा, दुसऱ्याक सोरो घालूंक तूं इतले दुडू खंयसून हाडटा?

जॉन : आरे बाबा, दुडू म्हणटात ते मेळोवंक कळूंक जाय.

राजीव : पूण अशें काम तरी कसलें करता तूं?

जॉन : चुकिल्या शेणिल्ल्या बायलांक कामाक लावपाचें.

राजीव : बरें काम... पूण हातूंत दुडू मेळटात?

जॉन : सांगलें न्हय, कसलेंय काम करतना तकली वापरली की दुडवांची रास पडटा म्हऱ्यांत.

राजीव : म्हाका शिकयशीत असलें काम?

जॉन : शिकपाची इत्सा आसल्यार.

राजीव : इत्सा आसा. पूण काम जमत?

जॉन : मनांत आसल्यार कितें जमना?

(ते उलयतात. इतल्यांत निला आनी झरीना येतात.)

निला : हाय जॉन...

झरीना : तूं नाच मरे हालीं.

निला : नवें बी कोणूय सांपडावंक ना जाळ्यांत?

जॉन : खरें तर हांव सोदीत आसा. पूण मेळच ना.

निला : तें कळ्ळें. नाजाल्यार आनीक एकलें नरकांत पडपाचें.

जॉन : (हांसता) कसो चल्ला तुमचो धंदो?

झरीना : ह्या दिसांनी गिरायक उणें.

जॉन : गिरायक हाडूंक जाय तर हाका सांगुया. ताकाय काम जायच.

झरीना : कोण हो? (ताका पळेता. दोगांचीय नदरानदर) तूं?

राजीव : तूंय हांगा? जॉन...!

(चवगांय एकमेकांक पळेत उरतात. काळोख. ल्हवू ल्हवू पड्डो पडटा.)

(नाटक सोंपता)

अभयकुमार वेलींगकार हे फाटलीं कितलिंशींच वर्सां नेमान साहित्य बरयतात. तांणी कवितेचे वेगवेगळे प्रकार हाताळ्ळ्यात. गद्य लेखनय तांणी विपूल प्रमाणांत केलां; हातूंत कथा, निबंद, नाटक, एकांकी, समाजीक-राजकी विशया वयले लेख हांचो आस्पाव आसा. एक सिद्धहस्त लेखक म्हणून तांची नामना आसा. आमचे दिसपट्टे जिणे कडेन संबंदीत खंयच्याय विशयाचेर ते बरोवंक शकतात. 'राष्ट्रमत', 'सुनापरान्त' ह्या वर्तमानपत्रांनी तांणी जायतें लेखन केलां. सध्या 'भांगरभूंय' ह्या वर्तमानपत्राचेर ते वेगवेगळ्या विशयाचेर नेमान बरयतात.

आयजवेर तांचे दोन कवितां संग्रह, एक कथा संग्रह आनी दोन नवलिका उजवाडा आयल्यात. तांणी बालसाहित्यूय बरयलां. बालसाहित्याचीं तांचीं आतां मेरेन 25 पुस्तकां प्रकाशीत जाल्यांत. जातूंत 8 काणयां झेले, 6 कवितां झेले, 8 चरित्रां आनी 3 अणकार अशे साहित्य प्रकार आस्पावतात. तांणी बरयल्ल्या 'इंग्लिशींतल्यान कोंकणी शिकात' ह्या स्वयंशिक्षकाचो जायत्या गोंयां भायल्या कोंकणी शिकपी विद्यार्थ्यांक लाव जाला.

'दीस उदेतकूच यो' ह्या तांच्या कविता संग्रहाक कोंकणी भाशा मंडळाचो 1989 वर्साचो आनी 'कंवच्यो' ह्या कथा संग्रहाक कोंकणी भाशा मंडळाचो 1990 वर्साचो पुरस्कार लाबला. तशेंच कोंकणी भाशा मंडळाचो 2019 वर्साचो चंद्रकांत केणी यादस्तीक स्तंभलेखन पुरस्कार मेळोवपाचो मानय तांकां फावो जाला.

शणै प्रकाशन
वेलींग

ISBN : 81- 86390- 18-9

मोल : ₹ 50/-